
# सासाय

खंड : 02, अंक : 03, जून – डिसेंबर 2024
(Volume: 02, Issue: 03, June-Dicember 2024)

सहकर्मी-समिक्षाकृत आंतरराष्ट्रीय कोंकणी संशोधन पत्रिका
(Peer Reviewed International Konkani Research Journal)



## कोंकणी संशोधन पत्रिका

कोंकणी अध्ययनशाखा,
शणै गोंयबाब भाशा आनी साहित्य महाशाला,

# सासाय

(गोंय विद्यापिठाची सहकर्मी-समिक्षाकृत आंतरराष्ट्रीय कोंकणी संशोधन पत्रिका)

जून – डिसेंबर 2024 । खंड : 02 । अंक : 03

मुखेल संपादक
**डॉ. प्रकाश पर्येंकार**

संपादक
**डॉ. हनुमंत चोपडेकार**

**कोंकणी संशोधन पत्रिका**
कोंकणी अध्ययनशाखा,
शणै गोंयबाब भाशा आनी साहित्य महाशाला,
गोंय विद्यापीठ

(गोंय विद्यापिठाची सहकर्मी – समिक्षीत आंतरराष्ट्रीय कोंकणी संशोधन पत्रिका)
**SAASAAY | VOLUME: 2 | ISSUE: 3 | JUNE - DECEMBER 2024**
**(Goa University's Peer-Reviewed International Konkani Research Journal)**

प्रकाशक :
**कोंकणी अध्ययनशाखा, शणै गोंयबाब भाशा आनी साहित्य महाशाला,**
गोंय विद्यापीठ, ताळगांव-गोंय, 403206.

**© गोंय विद्यापीठ**

संपादक मंडळ
**डॉ. प्रकाश पर्येंकार (मुखेल संपादक)**
**डॉ. हनुमंत चोपडेकार (संपादक)**
**डॉ. रमा मुरकुंडे (वांगडी)**
**डॉ. (फा.) लुईश गोमिश (वांगडी)**
**स. प्रा. सुशांत नायक (वांगडी)**

मुखपृश्ट : **श्री. कलानंद उर्फ अनंत कामत बांबोळकार**

मांडावळ आनी छापणावळ : **शरद एन्टरप्रायजेस,** ओल्ड गोवा

ह्या अंकांत प्रकाशीत बरपावळ वा तिचो खंयचोय वांटो वापरचे पयलीं सासाय अंकाच्या प्रकाशकाची परवानगी घेवप गरजेचें आसा. ह्या अंकांतले बरपावळींत उक्तायल्ल्या विचार-मतां-निती-रितीं कडेन संपादक मंडळ वा प्रकाशक सहमत आसतलेच अशें ना. बरपावळींतलें संभाव्य आशय-साम्य वा वाङ्मय चौर्य आदींची जापसालदारकी फकत संबंदीत बरोवप्याचीच आसतली. ताका 'सासाये'चे जाळवणदार जापसालदार आसचे नात.

**मोल रू.250/-**

# मांडावळ


| | | |
|---|---|---|
| 01 | ज्ञानपीठकार रवीन्द्र केळेकार विद्यापीठ - एक हावेस<br>– प्रो. प्रकाश वजरीकार | 11 |
| 02 | ज्ञानपीठकार रवीन्द्र केळेकार : कोंकणीच्या संघर्शपर्वाचे दिपस्तंभ (समाजभासविज्ञानीक मोलावणी)<br>- डॉ. हनुमंत चोपडेकार | 17 |
| 03. | मनोहरराय सरदेसाय हांच्या 'गोंया तुज्या मोगा खातीर' काव्यसंग्रहाचो चिकित्सात्मक अभ्यास<br>– सुशांत नायक | 32 |
| 04. | सांगाती : तत्वज्ञान आनी मानवी जिणेंतल्या मुल्यांचो सांगड<br>- डॉ. रेश्मा खोलकार | 40 |
| 05. | हिमालयांत'आनी'गोमांचल ते हिमाचल' ह्या प्रवासवर्णांचो तुळात्मक अभ्यास<br>– डॉ. (फा.) लुईश गोमिश | 49 |
| 06. | रवीन्द्र केळेकार हांच्या साहित्यांतलो वैचारीक स्वर<br>- डॉ. रमा मुरकुंडे | 55 |
| 07. | मनोहरराय सरदेसाय हांचे कवितेंतले पर्यावरणीय आनी मिथकीय आदीबंध<br>– गोरक सिरसाट | 62 |
| 08. | रवीन्द्र केळेकर हांच्या वेंचीक मराठी साहित्याची समाजशास्त्रीय चिकित्सा<br>– डॉ. प्राची जोशी | 71 |

| | | | |
|---|---|---|---|
| 09. | 'तुळशी' नवलिकेचें मानसशास्त्रीय आनी स्त्रीवादी विवेचन | – शुभा वेलिंगकार | 80 |
| 10. | गोंयचे अस्मितायेचो आवाज : मनोहरराय सरदेसाय हांचो साहित्यीक आनी वैचारीक प्रभाव | – ऍन्थनी गोमिश | 91 |
| 11. | कोंकणीच्या जैतांत वेंचीक कोंकणी फुडाऱ्यां मदले भावनीक संबंद : विशेश करून रवीन्द्र केळेकार आनी उदय भेंब्रे हांच्या संदर्भांत | – मानसी धाऊसकार | 109 |
| 12. | रवीन्द्र केळेकारांचें मानववंशशास्त्रीय लेखनः एक चिकित्सक अभ्यास | – आकाश गांवकार | 118 |
| 13. | रवीन्द्र केळेकार हांच्या साहित्यांतलो पर्यावरण आनी सैमविचार : वेंचीक कोंकणी साहित्याच्या संदर्भांत एक चिकित्सक मुल्यांकन | – सुजाता कांबळी | 127 |
| 14. | रवीन्द्र केळेकार हांच्या 'तुळशी' नवलिकेंतलें परंपरागत समाजमानस | – गौरांग भांडीये | 135 |

# रवीन्द्र केळेकार हांच्या साहित्यांतलो वैचारीक स्वर

**डॉ. रमा मुरकुंडे**
सहाय्यक प्राध्यापक, कोंकणी अध्ययनशाखा,
गोंय विद्यापीठ, ताळगांव पठार, गोंय.
rama.murkunde@unigoa.ac.in
9850468278

***सारांश-***

*रवीन्द्र केळेकार हांणी सुमार पांच तपां कोंकणी सरस्पतीची सेवा केली. ह्या कालावधींत तांणी निबंध, नवलिका आनी अणकारच्या रुपान ही सेवा केली. सगळ्या साहित्य प्रकारा मजगती निबंद ह्या साहित्य प्रकारांतल्यान ते चड व्यक्त जालें.*

*रवीन्द्रबाबाचे लेखणेंत समाजाचें पडबिंब स्पश्ट दिसता. जें तांकां आवडला तें आवडलां, पटलां आनी खंयच्या कारणाक लागून पटलां हेंय तांच्या बरपांत स्पश्ट आसता. जाणट्यांनी सांगला म्हूण नेणट्यांनी आयकुपाचे हें धोरण ना. जाल्यार स्वताचे बुद्धीचे सांडीर घांसून स्वताक पट्टा जाल्यारूच मान्य करपाची हो तांचो विचार दर पुस्तकांत अधोरेखीत जाता. प्रवाहा बरोबर व्हांवून वचपा वांट्याचे वायटांत बरे, बऱ्यांतले दोश पळोवपाची तांची कावळ्याची नदर फुडले पिळगेची वैचारीक बसका घालपी आसा.*

*रवीन्द्रबाबांच्या साहित्यांत वेगवेगळ्यो व्यक्ती, घडणुको आनी पुस्तकांचो प्रभाव दिसता, तांचेर तांणी केल्ले भाश्य दिसता. ह्या प्रपत्रांत कांय मेजक्यो देखी दिवन तांच्यो वैचारीक विविधतायेचेर उजवाड घालपाचो यत्न केला.*

***विशय केंद्रीत उतरां-***

*रवीन्द्र केळेकार, वैचारीक साहित्य, वैचारीक स्वर, कोंकणी साहित्य.*

कोंकणी किर्यादांची भास ते राजभास प्रवासांत खूब जाणांचो मोलादीक वांटो आसा. खंयच्येय भाशेक मानाच्या पाटार बसोवपाक लागतात ते भाशे खातीर वावुरपी. पूण भास जिती दवरपाक लागतात ते तिचे भाशीक लोक जे ते भाशेंत उलयतात, बरयतात, वाचतात आनी ती भास जगतात. कोंकणी सरस्पतीच्या दालनांत खूब लेखकांची सेवा रुजू जाल्ली आसा. अशे लेखक जांचे लेखणे कडेन समाज एकरूप जालो, केन्ना प्रेरीत जालो जाल्यार केन्ना साखरन्हिदेंतल्यान जागो जालो. आपले लेखणेंतल्यान समाजाचेर भाश्य करपी, बडी मारपी आनी कोंकणी भाशेच्या कितल्याश्याच लेखकां खातीर प्रेरणास्थान आशिल्लो लेखक म्हळ्यार रवीन्द्र केळेकार. कोंकणी भाशेक साहित्य अकादेमीचो पयलो पुरस्कार तांच्याच *'हिमालयांत'* ह्या पुस्तकाक 1977 वर्सा फावो जालो. जाल्यार अणकाराच्या मळा वयलो साहित्य अकादेमीचो 1990 वर्साचो अणकारा खातीरचो कोंकणी मेळपी पयलो पुरस्कार *'आनी तांकां मनशांत हाडले'* ह्या तांणी अणकारिल्ल्या पुस्तकाक फावो जालो. तांच्या *'काका साहेब कालेलकर'* ह्या हिंदी पुस्तकाक केन्द्रीय हिंदी संचालनालयाचो 1992 वर्साचो पुरस्कार फावो जालो. साहित्याच्या मळा वयलो भारतांतलो सर्वश्रेश्ठ पुरस्कार 'ज्ञानपीठ' फावो जावपी रवीन्द्रबाब पयले कोंकणी साहित्यीक थारले.

*'तुळशी', 'हिमालयांत', 'सांगाती', 'उजवाडाचे सूर', 'ब्रह्मांडांतलें तांडव', 'महाभारताचे अनुसर्जन' (2 वांटे), 'अघळ पघळ', 'वेळे वयल्यो घुलो', 'ओथांबे', 'आशिकुशीक'* हीं तांच्या साहित्य संपदेतलीं कांय मोलादीत रत्नां. नवलिका आनी अणकार जर कुशीक काडले जाल्यार स्वताक व्यक्त करपाक ज्या साहित्य प्रकाराचो उपेग रवीन्द्रबाबान चड प्रमाणांत केला तो म्हणजे निबंद.

ह्या निबंदांच्या रूपान रवीन्द्रबाब आमचे कडेन उलयता, प्रस्न मांडटा, विचार करूंक लायता. प्रवाहांतलो एक जावून धा लोक जाळया म्हणटा तें कितें तें पारखून, निरखून पळयता. तातूंत बरें आसा, पट्टा तें बरें आसा म्हणटात जाल्यार जें तांकां पटुना तें आपल्याक पटुना आनी तांची कारणां कितें तेंय स्पश्ट करतात. 'हांव सांगतां तें तूं आयक' हो विचार तांच्या बरपांत ह्या संशोधकाक तरी दिसुना.

समाजाक प्रस्न विचारून जाग हाडपाच्या कामां खातीर सोक्रेटसाची पद्धत सवंसारांत फामाद आसा. तसोचसो प्रयोग रवीन्द्रबाबाच्या लेखणेंत दिसला. ह्या प्रपत्रांत कांय वेंचिल्ल्या निबंदाच्या आदारान रवीन्द्रबाबाच्या साहित्यांत आयिल्ल्या वैचारीक स्वराचेर उजवाड घालपाचो यत्न संशोधकान केलां.

## वैचारीक स्वर-

रवीन्द्रबाबाच्या पुराय लेखनाच्यो देखी दिवप एका प्रपत्रांत दिवप म्हळ्यार पुराय दर्या कळशेंत भरपा सारके जातले. देखून कांय वेंचीक पुस्तकांच्या आनी वेंचीक लेखांच्यो देखी दिवन विचार मांडपाचो यत्न ह्या प्रपत्रांत केला.

मनाची भूक- लोकांनी आपणाक कशे लेखतात?

'ओथांबे' हें पुस्तक सप्टेंबर, 1999 वर्सा माणिकपद्म प्रकाशनान उजवाडाक हाडलें. ह्या पुस्तकांत रवीन्द्रबाबान आपले विचार, चितनां मांडल्यांत. पूण हीं चितनां निबंदाच्या रूपान नासून दिसपटयेंत बरयल्ल्याच्या रूपान आसा. तांणी आपले हे मांडणेक खंयच तारखो दिवंक ना पूण क्रम दिला. ह्या पुस्तकांतल्या चवथ्या क्रमांकार मांडिल्ल्या बरपांत ते मनशाच्या मनाचे भुकेचेर आपले विचार मांडटात.

"दुसऱ्यांनी आपणाक लेखचो म्हूण दुसऱ्यांचे लक्ष आपणाकडेन ओडचें ही इत्सा भुरगेपणासावन मनशांत आसता आनी जिवो आसासर ती ताच्यांत उरता. ही इत्सा वायट न्हय, बरीय न्हय. एक सभावीक भूक ती. कुडिचे दुसरे खंयचेय भुके सारकी. वायट बरें कितेंय तांतूंत आसा जायत जाल्यार तें भागोवपाचे रितींत आसा. खासा भुकेंत न्हय." (केळेकार, 3)

ही भूक कसली तें जाणून घेवन मागीर ती मनशाक गरजेची हें मान्य करप गरजेचें. खुबशा वेळार आमी अमूक गजाली आसात हें मान्य करनात. फुडें वचून त्यो गरजेच्यो हें मान्य करपाक आमकां उणाक दिसता. खुबशा वेळार आमकां दुसऱ्यान लेखिल्ले जाय ही गजाल मान्य करपाक आमी फाटीं रावतात. हो मनीस स्वभावाचो भाग हें मान्य करपाक आमकां लज दिसता. संत आशिल्ल्याचो आव आमी हाडटात. रवीन्द्रबाब हो मुद्दो, ही भूक सहजतायेन हाताळटात. ही भूक आसपाचेर लजपाची गरज ना पूण ती भागोवन घेतना मात आमी वेवस्थीत मार्ग आपणायलोना जाल्यार खंयच्या पातळेर देवूं येता हीय गजाल ते स्पश्ट करतात. रवीन्द्रबाब एक देख दितना सांगतात,

"धर, आमी एक संस्था चलयतात आनी तांतूंत असलो एक मनीस आसा. तो संस्थेचे दरएके बसकेक येतलो. आमी जी जी थारावणी घेतात तिचे आड कितें न्हय कितें उलयतलो, दुबाव काडटलो. हिशेब विचारतलो. 'तुमी पयशे खाल्यात' म्हूण आरोप करतलो. आमचे आड लोकांचे कान फुंकतलो. समज, ताका भीक घाली ना जाल्यार, तो नवी संस्था काडटलो. सर्तीत देंवतलो. तेंय जमलें ना जाल्यार, आमचें कशें पाड घालचें हाच्योच माणण्यो रचतलो. आमकां त्रास दीत रावतलो."

आमच्या सरभोंवतणी अशो कितल्येश्योच देखी आमकां दिसतल्यो. बेठोच बोवाळ घालप, नाशिल्लीं कुतां काडीत बसप ह्यो गजाली अवतीभवती नदर मारल्यार कळटा. कांय जाण तर आपल्याक म्हत्व मेळना म्हूण केसांच्यो, कपड्यांच्यो दशा दशा करून सदांच चर्चेच्या झोतांत रावपा खातीर धडपडटा ताच्यो देखी दिसतात. केशभुशा, वेशभुशा हातूंतले नवे प्रयोग आनी फकत 'लायम्लायटांत' रावपा खातीर केल्ली धडपड हातूंतलो फरक सूज्ञ मनशाक जाणवता. आयज अमिरेकेंत कांय लोक 'म्हाका हांव सुणो समजतां', "हांव माजर, म्याव" असलीं विधानां करतात ते पळोवन रवीन्द्रबाबान सांगिल्ल्या मुद्द्याचे म्हत्व समजता. ह्या लोकांक समाजेच्या

नदरेन आपूण उपेक्षीत आसा अशे दिशिल्ल्यान तांचे कडल्यान सामाजाचे लक्ष ओडून घेवपाची ही धडपड हें समजता.

रवीन्द्रबाबान दिल्ली देख वाचल्या उपरान्त आत्मनिरिक्षण करपाचो विचार वाचकाच्या मनांत येवपाक खूब वाव आसा. आत्मनिरीक्षणांतल्यान आपूण कितें करता, खंय चुकता, जाचेर ताशेरे ओडटा ताचे खरेंच चुकला कांय आपली ही मानसीक भूक भागुना म्हूण आपूण खरजता एकी कडेन आनी खरपिता दुसरी कडेन अशे जालां हाचेरूय विचार मंथन वाचकाच्या मनांत जावं येता आनी हें भोव गरजेचें. बरोवपी घराघरांत वचून दर एकल्याक सांगूंक शकना पूण तांचे लिखाण जो जो वाचता ताचे कडेन तो संवाद सादता.

खुबशा वेळार मनीस स्वभावाक लागून आमकां जाय दिसपी गजाली चारचौगांत मान्य करपाक आमकां लज दिसता. तशेंच आमचे चुकता जाल्यार तें थंडपणान, आमकां लज करनासतना सांगप कितल्या प्रमाणांत जाता? चारचौगांत अक्कल वयर काडून 'तुका कशे कळना' वा तुजें चुकलां आनी हांव कसो शाणो' हें सांगप चड जाता. परिणाम म्हळ्यार आयकुप्या मेरेन उपदेश पावना, अपमान आनी तिडक मात भरभरून पावता. रवीन्द्रबाब स्वाभिमान दुखय नासतना कितें, कशें चुकला तें स्पश्टपणान सांगतात. आयच्या ह्या तत्रंगिन्यान्याच्या आनी आयच्या युगांत मनशाच्या मनाचे भुके विशीं तांणी सांगिल्ले विचार खूबच गरजेचे थारतात.

## अहिंसा– 'सवंसार ताची वाट पळयता'

'सवंसार ताची वाट पळयता' हो निबंद *'अघळ पघळ'* ह्या पुस्तकांत आसपावला. हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीन 2005 ह्या वर्सा उजवाडयल्लें.

अहिंसा हें उतर आमी खूब वापरून झरयलां. अहिंसा हें उतर, ताचो इतिहास, अहिंसा ही संकल्पना कशी मुखार आयली ह्या सगळ्या मुद्द्यांचेर 'सवंसार ताची वाट पळयात' ह्या निबंदांत रवीन्द्रबाबान उजवाड घाला.

खूबदां आमी फकत एक उतर आयकिल्लें आसता, ताच्या अर्थाची थोडीभोव कल्पना आसता पूण खोलायेन वचून, वाचून ती पुरायेन समजून घेवपाचो यत्न आमी खऱ्यानीच कितलोसो करता? कांय वेळार जाल्यार वाची नासतना, सारकें सोदीं नासतना कोणाकूय अमूक तमूक संकल्पनेचो जनक म्हूण मानून आनी चार लोकांक व्हडा विश्वासान सांगतात.

रवीन्द्रबाबाचो हो लेख अहिंसा ही संकल्पना खंयच्या काळार आनी चड म्हत्वाचे म्हळ्यार खंयच्या कारणांक लागून उदेवाक पावली तें स्पश्ट करतात. महाभारताच्या काळार जो सहस्त्रां वयर नरसंहार जालो तांकां जाप म्हण अहिंसा हो विचार प्रामुख्यान मुखार आयलो अशें रवीन्द्रबाब बरयतात.

"हिसेंचो येदो व्हड हो अच्छेव पळोवन 'नाका, हिंसाच नाका. स्वर्ग जोडपा खातिरूय नाका, राज्य चलोवपा खातीर नाका, सत्येर बसपा खातीरूय नाका, पोट भरपा खातिरूय नाका...' अशें देशाक खोलायेन दिसपाक लागिल्लें." (केळेकार, 141)

सातत्यान बदलत रावप होच सवंसाराचो स्थायीभाव. पूण समाजांत जे बदल आमकां दिसतात ते अशेच, आपसूक आसनात. ताच्या फाटल्यान कांय घडणुको, कांय व्यक्ती जबाबदार आसतात. हीं कारणां समजून घेवप एक विचार करतल्या जागृक नागरीकांक गरजेचे आसता. बुद्धीक पटपां सारकी कारणां आसल्यार बरोवप्याचीं मतां वाचकांक पटूं येत. अशेंच ह्या लेखा बाबतीत जाता.

लेखांत फुडें रवीन्द्रबाब आमी खंयच्याय गजालीचो कसो अतिरेक करतात तेय स्पश्ट करतात. महावीरान अहिंसेच्या मार्गाक जे प्रोत्साहन दिले ताचो अतिरेक म्हण स्वास घेतना लेगीत खंयचो जीव मरू नये म्हूण जैन नाकार आनी तोंडार लुगट बांदपाक लागले.

"पुणून, ह्या देसाक खंयच्याय तत्वाची अतिताय केले बगर केन्ना धादोसकाय भोगली ना. जेवणांत मास आसचें न्हय ह्या विचाराची महावीरा उपरांतच्या काळांतल्या जैनांनी खूब अतिताय केली." (केळेकार, 143)

तांकां जें जांव बरोबर जांव चुकीचें दिसता ताचेर ते आपलें स्पश्ट मत मांडटात.

हिंसेच्या रूपारूय ते आपले विचार मांडटात. मार, काप, बडय ह्या भायरूय हिसेंचे रूप आसा ताचे कडेन वाचप्यांची नदर व्हरतात.

"आपणालो लाव करून घेवपा खातीर दुसऱ्याचो गैरलाव घेवप, दुसऱ्याक छळप. नाडप, ताचेर जुलूम करप, ताचें रगत लुंचप हें शोशण (exploitation) हिंसेचेंच एक रूप." (केळेकार, 144)

वाचप्यांच्या मनांत एकेच गजाली कडेन पळोवपाची वेगळी नदर ते दितात.

## मनुस्मृती-

'आशिकुशीक' हें रवीन्द्रबाबाचें विचार मंथन करपाक लावपी आनीक एक पुस्तक. 2007 ह्या वर्सा तें जाग प्रकाशनान उजवाडाक हाडलें. ह्या पुस्तकांतूय निबंदाक माथाळे नासून क्रमांक दिल्यात. तातूंतलेच एक म्हळ्यार 49 क्रमांकाचें बरप. ह्या बरपांत रवीन्द्रबाब हिंदूक हें नांव कशें पडला आसूं येता हे चर्चेचेर आपलें मत मांडटात तशेंच ते मनुस्मृती बद्दलूय बरयतात.

'मनुस्मृती' हें नांव वाचून पयलो पूर्वाग्रह जाता तो म्हळ्यार जाती वेवस्थेच्या कडक कार्यावाहनाक समर्थन करपी आनी अस्तुरेक किंकोत करपी ग्रंथ. हातूंत आनी कितें बरें आसूं येता? पूण रवीन्द्रबाब तातूंतय कितें तरी बरें आसा आनी तें कितले बरें आसा तेवूय सांगता. एकाद्री खंयचीय गजाल पुरायेन बाद आसनासतना तातूंतय उपेगी, समाजकल्याण करपी आसूं येता हो दृश्टीकोण तांच्या बरपांतल्यान मुखार येता.

रवीन्द्रबाब मनुस्मृतींत दिल्ल्या धर्माच्या धा लक्षणांचेर उजवाड घालतात.(पान क्र.102) ते म्हणटात,

"पुणून मनून आपणाले 'स्मृतीं'त धर्माचीं जीं धा लक्षणां सांगल्यांत तीं बकच्छायो करपा सारकीं निखालूस न्हय. परतीं, पाठ गिरोवपा सारकीं लक्षणां

हीं, चलणुकेंत हाडपा सारकीं. मनू म्हणटा-

*धृतिः क्षमा दमः अस्तेय शौच इन्द्रिय निग्रहमः*
*धीः विद्या सत्यं अक्रोधः दशकं धर्मलक्षणम् ।*

संस्कृतांतली उक्ती दिवन रवीन्द्रबाब ताचें कोंकणींत स्पश्टीकरण दिता. ते इतल्यारूच थांबनासतना कंसांत इंग्लीशींतूय पर्यायवाचीं उतरां दितात जाच्या आदारान कोणेय इंग्लीशींत अर्थ आरतून परतून पळोव येता. समाजांतल्या सगळ्यां कडेन एकरूप जावन चलप, एकामेकांच्यो चुकी माफ करप, फुरफुरप ना, चोरप ना, निर्मळ रावप, इन्द्रियांचेर अंकूश दवरप, बुद्ध स्थिर दवरप, सदांच नवें शिकप, सत्या बरोबर चलप, रागाचेर नियंत्रण दवरप अशीं हीं धा लक्षणां. हीं लक्षणां वाचून कोण म्हणटलो ही वायट देख घालून दिता म्हण? ते सनातन धर्माचेर भाश्य करतात आनी सनातन धर्मांत आशिल्ल्या मेकळीके विशीं स्पश्टपणान भाश्य करतात. आपल्याक मनुस्मृती परत वाचची पडली अशेय ते म्हणटात. रवीन्द्रबाब परतून कितें तरी बरें मेळटा कांय सोदपाचो यत्न करता अशे दिसता. पूण मनुस्मृतींतल्या बऱ्याचेर तोखणाय करतना तातूंल्या वायटाचें ते समर्थन करनात. एक समा नदर दवरून समोर आसा ते अभ्यासपाची तांची नदर वाचकांक स्पश्ट जाता. एक खंयचीय गजाल पुरायेन वायट आसता तेन्ना ती कोणे रचल्या, हाडल्या वा कोण ताचें समर्थन करता ह्या कसल्याच मुद्द्याचो विचार करनासतना ती भायर मारूंक जाय. पूण कोण तरी सांगता म्हूण स्वता ताचो अभ्यास करनासतना केन्नाय तोकांची भुमिका घेवपय चुकिचे. रवीन्द्रबाबाचें खाशेलेपण म्हळ्यार ते आपूण स्वता अभ्यास करता, बुद्धीचे साणीर घांसून पळयतात आनी मागीरूच आपले विचार मांडटात. मनुस्मृतीन वायट, अमानवी आसा ते भायरावपाकच जाय हांतूत दुबाव ना पूण सुक्या बरोबर ओले जाळ नासतना जें बरें, समाज सुंदर करपी आसा तें सांबाळपाची गरज आसा हो विचार मुखार येता.

## निश्कर्श-

रवीन्द्रबाबाच्या लेखन साधनेन आनी उपासनेन कोंकणी साहित्यांत संख्येन आनी गुणान मौल्यवान अशी साहित्य संपदा दिल्या. तांच्या उपाट वाचनाची आनी वैचारीक बैठकीची जाणीव तांचे साहित्य वाचले उपरांत जाता.

संशोधकान ज्यो देखी मांडल्यात तीं पुस्तकां अनुक्रमान 1999, 2005 आनी 2007 ह्या वर्सांनी छापिल्लीं म्हणजेच छापील वर्साच्या उण्यांत उणे एक दोन वर्सां आदीं तर कांय वेळार खूब वर्सां आदीं तीं बरयल्लीं आसात हें प्रस्तावना वाचल्या उपरान्त स्पश्ट जाता. पूण ह्यो देखी आनी हे विचार आयज 2025 लेगीत तितलेच अर्थपूर्ण दिसतात ही जमेची बाजू थारता. आयज रवीन्द्रबाब आमच्या मदीं शरीररूपान नात पूण तांचे विचार, तांची विचार करपाची रीत आयज लेगीत प्रेरणा दिता.

ग्रीक साम्राज्याच्या विचारवंत, ज्ञानी अश्या कांय लोकांचे सुचींत सोक्रेटस हे सामके अग्रेसर आसा. तो आपल्या विद्यार्थ्यांक सरळ सरळ जापो दिना आसलो. प्रस्न विचारतालो- कशे? कित्याक? ह्या उपक्रमाक लागून ताचे विद्यार्थी

आयत्यो जापो पाठ करनाशिल्ले. विचार करप ही सगळ्यांत म्हत्वाची गजाल ते करपाक शिकले. गुरू सांगातान आनी गुरू शिवायूय. रवीन्द्रबाबूय सरळ सरळ जापो दिनात. अमूकच करा, तमकूच करा अशे उपदेशूय ते माथ्यार मारनात. समाजांतल्या चार जाणांनी वायट म्हळां, नांवां दवरल्या म्हण 'हय सायबा' म्हूण 'री' ओडनात, सामजमान्य आसा म्हूण स्वताच्या बुद्धीच्या सांडीर घांसले बगर, तपास नासतना मान्य करनात. आपल्या वागण्यांतल्यान ते विचार कसो करचो, प्रस्न करचे ही देख दितात.

प्रवाहा बरोबर वा प्रवाहा आड वतना कोण कितें म्हणटलो हाचो विचार तांच्या बरपांत संशोधकाक मेळूंक ना. जें तांकां पटला वा पटुना तें तांणी स्पश्टपणान, बेधडक मांडला. साहित्यीकान जें धैर्य दाखोवपाक जाय तें दाखयलां. पूण वैचारीक बसकेच्या बुन्यादीर हो धाडशी स्वभाव आसा. प्रसिध्दी झोतांत येवपा खातीर मेळटा तशी भास वापरून, कोणाकूय विनाकारण दुखय असल्यो हलक्यो गजाली तांच्या बरपांत दिसनात. आयज 'लायक्स' आनी 'फोलोव्हरांच्या' युगांत रवीन्द्रबाबाच्या वैचारीक बसकेची अदीकांत अदीक गरज आसा हें तांचें बरप वाचले उपरांत समजता.

कोणाकूय जर काल आसा ताचा परस स्वताक उत्तम करीन दिसता जाल्यार रवीन्द्रबाबाचे लेखन अशें करपाक लागपी वैचारीक बुन्याद घालपाक योग्य दिका दाखयता. कितें विचार कर ह्या वाट्याचे कसो विचार करूंक जाय हें उमजप, होलमप अदीक गरजेचें.

रवीन्द्रबाबाच्या लेखनाची संशोधकाक मानवता ती उत्तम गजाल म्हळ्यार तिची भास-सादी, सोपीं, सरळ. आज्यान नात-नातवा कडेन उलयल्ल्यावरी कठीण गजाल लेगीत ते सोंपेपणी मांडटात.

रवीन्द्रबाब जरी शरीररूपान मार्गदर्शन करपाक नासले तरी फुडल्या पिळग्या खातीर तांचें साहित्य वैचारीक दिका दाखोवपी आनी मार्गदर्शक थारता हांतूत दुभाव ना.

## संदर्भ आनी आदारावळ-

1. केळेकार, रवीन्द्र. *ओथांबे*, माणिकपद्म प्रकाशन, बांदोडें , सप्टेंबर, 1999.
2. केळेकार, रवीन्द्र. *अघळ पघळ*, गोवा कोंकणी अकादेमी, पाटो कॉलनी, पणजी, गोंय, 2005.
3. केळेकार, रवीन्द्र. *आशीकुशीक* (स्वान्तःसुखाय बरपां), जाग प्रकाशन, 02 ऑक्टोबर, 2007.
4. देसाय, गुणाजी आनी चोपडेकार, हनुमंत. संपादक, "प्रस्तावना", *रायटर आनी फायटर रवीन्द्र केळेकार*, बटुकाक स्मृती प्रतिष्ठान, फातोर्डा, मडगांव, 2012.
5. मुरकुंडे, रमा. "असोय रवीन्द्र सांगात", *जाग*, जाग प्रकाशन, मडगांव, सप्टेंबर, 2024.
6. सरदेसाय, माधवी. *"कोंकणी चळवळीक रवीन्द्रबाबालें योगदान"*, *मंथन*, जाग प्रकाशन, मार्च 2012.

■■■